# मुख्यमंत्र्यांच्या अध्यक्षतेखाला अधिकारीता कार्यकारी पंगडांची बसका जाली

ता. 28 सप्टेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला काल आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय अभियानाच्या अंमलबजावणी खातीर स्थापन केल्ल्या अधिकारीता कार्यकारी पंगडांची बसका जाली. बसकेत स्वयंपूर्ण गोंय अभियानाच्या कार्याचो नियाळ घेतलो.

बसकेत मार्गदर्शन करतना मुख्यमंत्र्यान प्रत्येक विभागाक किमान एक गाव दत्तक घेवन त्या गावांत सगल्या येवजणांची अंमलबजावणी करपाक सांगलें. खात्याच्या मुखेल्यांनी दत्तक घेतिल्ल्या गावांत आठवड्यातल्यान एकदा तरी भेट दिवची आनी कामचो नियाळ घेवचो. तशेंच सरकारी कल्याणकारी येवजण्यो लोकांच्या दारामेरेन पावोवपाखातीर अधिकाऱ्यांक मार्गदर्शन करचे, अशें सांगलें. अधिकाऱ्यांनी लोकांकडेन वचून गांवच्या लोकांक आनी खास करून शेतकारांक शेती, पशुसंवर्धन अशा खात्यांच्या येवजणांची म्हायती करून दिवची आनी तांकां अशां येवजणांचो लाव घेवपाक मदत करची, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

डॉ.सावंत हांणी येवजणांच्या अंमलबजावणी खातीर तजवीज केल्ल्या निधीचो योग्य वापर करून प्रकल्पांची कामां पुर्ण करपाखातीर कृती आराखडो तयार करपाची सुचोवणी केली. राज्यांत स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेची जागृताय करपा खातीर खास ग्रामसभा आयोजीत करून लोकांक वेगवेगळ्या खात्यांच्या येवजणांची म्हायती करून दिवपाची गरजय मुख्यमंत्र्यान उक्तायली.

स्वयंपूर्ण गोंय मोहिमेखाला हातात घेतिल्ले प्रकल्प आनी येवजणांची कामां पुर्ण करपा खातीर खात्यान नोडल अधिकाऱ्याची नेमणूक करपाचीय सुचोवणी मुख्यमंत्र्यान केली, जेणे करून प्रकल्पांची कामां सुरळीतपणान पुर्ण जातली.

डीआरआयडीचे म्हासचीव श्री अतुल जैन हांणी स्वयंपूर्ण गोंयचे उद्दिश्ट पुर्ण करपा खातीर संबंदीत यंत्रणांनी एकवटान प्रयत्न करपाची गरज आशिल्ल्याचे

सांगून केंद्र सरकारान यशस्विपणान अंमलबजावणी केल्ल्या जल अभियान आनी हेर येवजणांची म्हायती दिली.

गोंयांतल्या भुगोलीक संसाधनां, लोकसंख्या, जलसंपदा, वनसंपदा, कृशी उत्पादनां, बागायती उत्पादनां, पशुसंवर्धन, नुस्तेमारी वेवसाय, पर्यटन उद्देग, येरादारी, आनी हेर उद्देग-वेवसायाची म्हायती संकलीत करपाची आवश्यकता आशिल्ल्याचेय तांणी सांगलें.

बसकेक मुख्य सचीव श्री परिमल राय, मुख्यमंत्र्यांचे सचीव श्री जे अशोक कुमार, पर्यावरण सचीव श्री कुणाल, नियोजन आनी सांखिकी विभागाचे संचालक डॉ. वाय. दुर्गाप्रसाद, GSBBB चे वांगडी सचीव डॉ.प्रदीप सरमोकादम, मुख्यमंत्र्यांच्यो ओएसडी डॉ.प्रतिभा, कला आनी संस्कृती सचीव श्री सी.एस. गर्ग आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/803

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji